30th May 2026

8.40am

मुखेल खबरो

- गोय राज्य आयज आपलो, ४०वो घटक राज्य दिस मानयता. हे निमतान उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन पणजे कला अकादेमींत, घटक राज्य दिसाच्या कार्यावळीत वाटेकर जातले.
- अस्तंत आशिया संघर्शांक लागून, संवसारीक उर्जेची पुरवण खंडीत जावपाक लागिल्ल्यान, सरकारान तेल कंपनींक 30 दिसांचो एल.पी.जी सांठो संरक्षित करपाक सांगलां.
- म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष U- Min- Aung- Hlaing आयज पांच दिसांच्या भारत भोंवडेर, बिहारांत पावतले.
- हाँगकाँगात जाल्ल्या २२व्या आशियाई एथलेटिक्स सर्तींत, भारतान बेसबरी कामगिरी चालू दवरून, चार भांगरा पदका सयत आठ पदकां जोडल्या.
- आयपीएलात, गुजरात टायटन्सान, राजस्थान रॉयल्साक 7 विकेटींनी हरोवन, फायनलीत सुवात मेळयली.
- हवामान खात्यान आयज वेगवेगळ्या राज्यांनी जगला संयत आनी गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.

घटक राज्य - 130

गोंय आयज आपलो ४०वो घटक राज्य दिस मानयता. 1987 वर्साच्या ह्या दिसा, गोंयाक राज्यपद मेळ्ळें आनी तें भारतीय संघाचें 25वें राज्य जालें. हे निमतान उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आयज पणजेच्या कला अकादेमींत, घटक राज्य दिस कार्यावळीत वाटेकर जातले. १९६१ वर्सा पोर्तुगेज सत्तेंतल्यान मुक्त जातकच, दमन आनी दीव हांचेवांगडा गोंय संघराज्य जालो. एक व्याख्यात्मक खीण 1967 वर्सा आयलो, जेन्ना गोंयची वेगळी वळख तिगोवन दवरपा खातीर, गोंयकारांनी इतिहासीक मतदान केलें. 1987 वर्सा कोंकणीक राजभास म्हूण मान्यताय मेळिल्ल्यान, राज्यपदाची वाट मेकळी जाली आनी त्या वर्सा 30 मे दिसा गोंय हे भारताचें 25वें राज्य जालें. आयच्या कार्यावळींत नामनेचे व्यंगचित्रकार मारियो मिरांडा हाचो यादस्तीक शिक्को

जारी करप, कॉफी टेबल पुस्तकाचें विमोचन, पुरस्कार वितरण आनी नागरिक कल्याण उपक्रमांचो आस्पाव जाता. उपरांत, उपराष्ट्रपती गोंयांतल्या सी.एस.आय.आर-नॅशनल इन्स्टिटट्यूट ऑफ ओशनोग्राफीक भेट दितले आनी शास्त्रज्ञां कडेन संवाद सादतले.

PETROL

अस्तंत आशिया संघर्शांतल्यान संवसारीक उर्जेची पुरवण खंडीत जावपाक लागल्या, म्हणून सरकारान भौशीक क्षेत्रांतल्या तेल विपणन कंपनींक उण्यांत उणें 30 दिसां खातीर, द्रवीकृत पेट्रोलियम गॅस (एल.पी.जीचो) सांठो करपाक सांगलां. अस्तंत आशियांतल्या संघर्शा विशीं काल, आंतर मंत्रालयीन पत्रकार परिशदेंत पत्रकारां कडेन उलयतना, पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांतली संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी हे विशी म्हायती दिली. भारत कच्चें तेल सांठोवपाची तांक वाडोवपा खातीर वावुरता. साठ्या वरवीं इंधन सुरक्षीतताय घटमूट करपाक आनी अखंड पुरवण सुनिश्चीत करपाक सरकार वावुरता. सरकारान भारतीय तेल म्हामंडळ, भारत पेट्रोलियम आनी हिंदुस्तान पेट्रोलियम ह्या सरकारी तेल विपणन कंपनींक, नेमान वेपारी सामुग्री परस चड साठोवपाची येवजण आखपाक सांगल्या, अशेंय सुजाता शर्मा हिणें सांगले.

MYANMAR President -

म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष U- Min- Aung- Hlaing आयज सकाळीं पांच दिसांच्या, भारत भोंवडेर बिहारांतल्या गया पावतले. ताचे वांगडा जायते मंत्रीमंडळ वांगडी, वरिश्ठ अधिकारी आनी वेवसायीक फुडारी हांचो आस्पाव आशिल्लो, उंचेल्या पांवड्यावेले शिश्टमंडळ आसतले. राष्ट्राध्यक्ष U Min Aung Hlaing हांची, सध्याच्या क्षमतेन भारताची ही पयली भेट आसतली. गया हांगा, म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष महाबोधी देवळांत आनी सुजाता देवळांत प्रार्थना करतले. उपरांत, ते नवी दिल्ली पावतले. आयज सांजे ते विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांची भेट घेतले. फाल्यां म्यानमारचे राष्ट्राध्यक्ष, म्यानमार-भारत वेवसायीक मंचात वाटेकर जातले. सोमारा ते प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन, दोनूय देशां मदले इतिहासीक आनी संस्कृतीक संबंद आनीक घटमूट करपा विशीं चर्चा करतले. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना, विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी, म्यानमार आनी भारत हांचे मदले प्रस्न, दोनूय फुडाऱ्यां मदल्या बसके वेळार मुखार येतले, अशें सांगले.

शिक्षण मंत्री प्रधान -

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी समग्र शिक्षा अभियाना खाला, निधी जारी करप आनी वापरपा विशीं सविस्तर नियाळ बसका घेतली. तातूंत समग्र शिक्षा 3.0 चड कार्यक्षम, पारदर्शक आनी परिणाम प्रधान करपाचेर भर दिलो. समग्र शिक्षा अभियान, पीएम-पोशन, पीएम-श्री (प्रधानमंत्री स्कूल्स फॉर रायजिंग इंडिया) आनी हेर मुखेल कार्यावळी सयत, एकात्मिक पद्दत ह्या वर्सा सावन सुरू जातली, अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्री प्रधान हाणी सांगला. हाका लागून शाळेच्या शिक्षणीक प्रणालींत चड समन्वय सुनिश्चीत जातलो, अशें तांणी मुखार सांगलें. काल बसके वेळार, केंद्र-राज्य संलग्नताय घटमूट करपा विशीं चर्चा जाली. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 प्रभावीपणान चालीक लावपाचेर, नव्यान लक्ष केंद्रीत करतले, विद्यार्थ्यां मदीं नवनिर्माण, पोशण, कुशळटाय उदरगत, खेळ आनी कला हांचेर खासा भर दितले. विकसित भारत 2047 खातीर गरजेचें मनीसबळ तयार करपाक ह्या यत्नांची म्हत्वाची भुमिका आसतली, अशें मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी सांगलें.

गृहमंत्री शाह -

नव्या सुरक्षा आव्हानांक तोंड दिवप, चड प्रभावी करपा खातीर शिमे सुरक्षा दळाक जापसालदारकेचे अतिरिक्त वाठार दिवपाचो विचार सरकार करता, अशे केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगला. काल गुजरातांतल्या भुज हांगा, बी.एस.एफच्या कर्मचाऱ्यां कडेन संवाद सादतना मंत्री शाहा उलयताले. मंत्री शाहा हांच्या हस्तुकीं भारत-पाकिस्तान शिमेचेर, म्हत्वाच्या दोन नव्या शिमेवयल्या चौकांचें उक्तावण जाले. बीएसएफ स्थापन जावन, 60 व्या वर्सा उपरांत बी.एस.एफचे शिमेचे सुरक्षा संकल्पनेंत, पुरायपणान बदल करपाचो निर्णय घेतला, अशें तानी सांगलें. स्मार्ट बॉर्डर सुरक्षा प्रकल्पा खाला शिमेवयल्या सुरक्षेक घटमूट करपाचे यत्न सुरू आसात, अशें गृहमंत्री शहा हांणी सांगलें. ह्या यत्नांत कोट्यानी रुपयांची गुंतवणूक आसा आनी ड्रोन, रडार, वॉच टॉवर, अत्याधुनीक तंत्रगिन्यान, आनी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांची नेमणूक केल्ल्यान, एक घटमूट सुरक्षा जाळी तयार जातली. हे एकदां स्थापन जातकच, देशाच्यो शिमो मोडपाचें धाडस कोणाकूच जावचें ना, अशेंय तांणी स्पश्ट केला.

वैष्णव डी.एल.आय -

डिझायन लिंक्ड इंसेंटिव्ह (डी.एल.आय) येवजणेंतल्यान प्रोत्साहन मेळटा, अशें केंद्रीय इलक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. सोशल मिडिया पोस्टांत मंत्री वैष्णव हाणी काल, तिरुवनंतपुरमांतल्या अर्दवायू स्टार्टअप नेट्रा-सेमीन देशांतली पयली Edge AI System-on-Chip, NETRA A2000, ही प्रगत 12 नॅनोमीटर तंत्रज्ञान नोड वापरून तयार केल्या, अशे सांगले. वेपारात ही चिप वापरल्यार ऑटोमोबायल, रोबोटिक्स, ड्रोन ह्या क्षेत्रांतल्या स्मार्ट व्हिजन अप्लिकेशनांक शक्त मेळटली, अशें तांणी मुखार सांगलें.

धर्मेंद्र प्रधान -

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी सांगला की, पेपरफुटीची घटना अत्यंत चूकीची आसा. डीडी न्यूजाक दिल्या खासा मुलाखतीत, मंत्री प्रधान हाणी आश्वासन दिला कि, फेरपरीक्षा प्रक्रिया कसल्याच चुकांशिवाय, योग्य आणि पद्धतशीरपणान जातली. हे काम सुरळीतपणान जावचे म्हण, सगळ्यांनी सहकार्य करचे, अश्ये आवाहन तांणी केला. विद्यार्थ्यांक संबोधित करताना मंत्री प्रधान हाणी म्हटला, की सरकाराक तांच्यो चिंता समजतात आणि हे चुकीचे घडला, हे तांणी मान्य केला.

HONGKONG स्पोर्ट्स -

HONGKONG हांगा जाल्ल्या आशियाई 20 वर्सां सकयल्या एथलेटिक्स सर्तींत, भारतान आपली प्रभावी कामगिरी चालू दवरून चार भांगरा, दोन रुप्या आनी दोन कांस्य पदका सयत आठ पदकां जोडली आनी चीनाच्या उपरांत, क्रमवारींत दुसरी सुवात मेळयल्या. काल सर्तीच्या दुसऱ्या दिसा, भारतीय खेळगड्यांक चार भांगरा पदकां सयत सात पदकां फावो जाली. 19 वर्सां पिरायेची पूजा सिंग हिणे बायलांच्या वर्गांत, 1.93 मीटर उडी मारून, भांगरा पदक जिखून बेसबरी कामगिरी दाखयली. भारताचीं आनीक तीन भांगरा पदकां दादल्यांच्या 5 हजार मीटर सर्तींत नितीन गुप्तान मेळयली. जाल्यार बायलांच्या डि-स्कस फेकांत, Amanat Kamboj हाणें पयलो क्रमांक मेळयलो आनी दादल्यांच्या डेकाथलॉन सर्तींत राहुल जाखरान yellow metal मेळयलो.

आयपीएल क्रिकेट -

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल रातीं, न्यू चंडीगढांत जाल्ले दुसरे क्वालिफायर मॅचींत, गुजरात टायटन्स पंगडान, राजस्थान रॉयल्साक 7 विकेटींनी हारयलो. ह्या जैताक लागून आतां फाल्यां गुजरात टायटन्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड अहमदाबादांत फायनल मॅच जातली.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत उत्तर प्रदेश, बिहार, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांत, उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच हरियाणा, पंजाब, दिल्ली, राजस्थान, विदर्भा आनी छत्तीसगडात गडगड मारपाचो अदमास आसा. हवामानांतल्या वेगवेगळ्या बदलांक लागून गोयात, जगला आनी गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय, हवामान खात्यान उक्तायल्या. फुडले स दीस राज्यांत, चडांत चड 34 ते 35 जाल्यार, उण्यांत उणे 27ते 28 अंश सेल्सिअस तापमान उरपाची शक्यताय, हवामान खात्यान उक्तायल्या.

Announcement –

ही आसा एक कळोवणी. आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्ग वारीत, तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर, पीराय 21 ते 50 वर्सां, कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान, इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब तशेच प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर.एन.यू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अर्ज करपाक निमणी तारीख 1 जून अशी आसा.

परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

1. गोंय राज्य आयज आपलो, ४०वो घटक राज्य दिस मानयता. हे निमतान उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन पणजे कला अकादेमींत, घटक राज्य दिसाच्या कार्यावळीत वाटेकर जातले.
2. अस्तंत आशिया संघर्शांक लागून, संवसारीक उर्जेची पुरवण खंडीत जावपाक लागिल्ल्यान, सरकारान तेल कंपनींक 30 दिसांचो एल.पी.जी सांठो संरक्षित करपाक सांगलां.
3. म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष U- Min- Aung- Hlaing आयज पांच दिसांच्या भारत भोंवडेर, बिहारांत पावतले.
4. हाँगकाँगात जाल्ल्या २२व्या आशियाई एथलेटिक्स सर्तींत, भारतान बेसबरी कामगिरी चालू दवरून, चार भांगरा पदका सयत आठ पदकां जोडल्या.
5. आयपीएलात, गुजरात टायटन्सान, राजस्थान रॉयल्साक 7 विकेटींनी हरोवन, फायनलीत सुवात मेळयली.
6. हवामान खात्यान आयज वेगवेगळ्या राज्यांनी जगला संयत आनी गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!